## गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड वासिनां दिवपाक सुरवात

ता. 15 जुलय 2020

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय जनावरां रोग नियंत्रण कार्यक्रमा खाला ता. 10 जुलय 2020 सावन गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड वासिनां दिवपाच्या कार्यक्रमाक सुरवात केल्या आनी हो कार्यक्रम ता. ९ ऑगस्ट 2020 मेरेन चलतलो.

ह्या कार्यक्रमाखाला सगळीं गोरवां आनी म्हशींक वासिनां दिवपाचो प्रयत्न आसतलो आनी जनावरांची रोगप्रतिकार शक्त तपासपा खातीर वासिनां दिवचे पयली आनी उपरांत सेरा सॅम्पल घेतले. वासिनां केल्ल्या सगळ्या जनावरांची वळख दवरपा खातीर तांच्या कानाक बिल्लो लावप आवश्याक आसा.

गोरवांक वासिनां दिवपाचो कार्यक्रम यशस्वी करपा खातीर दुदकार शेतकारांनी खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/387

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-

-